**<u>कुडचडेच्या रवींद्र भवनावतीन सांगे आनी केपे तालुका पांवड्याचेर गीत गायन सर्त</u>**

ता. 3 जानेवारी 2023

कुडचडेच्या रवींद्र भवनान 22 जानेवारी 2023 दिसा सांगे आनी केपे तालुका पांवड्याचेर गीत गायन सर्तीचे आयोजन केला. ही सर्त 7 ते 18 वर्सां (ज्युनियर गट) आनी 18 वर्सां (सिनियर गट) वयल्या पिराय गटात आयोजीत करपात येतली. ही सर्त कोंकणी, मराठी आनी हिंदी अशा तीन गटात जातली. सर्तकांक फकत एकाच गटात वाटो घेवपाक मेळटलो.

दोनीय पिराय गटांखातीर पयले इनाम 5 हजार रूपयां, दुसरे इनाम 3 हजार रूपयां आनी तिसरे इनाम 2 हजार रूपयां आनी प्रशस्तीपत्र तशेंच 1 हजार रूपयांची दोन उमेद वाडोवपी इनामां भेटोवपात येतली.

सर्तीची निवड चाचणी 15 जानेवारी 2023 दिसा सकाळी 10.00 वरांसावन रवींद्र भवनात जातली. तशेंच निवड जाल्ल्या सर्तकांची 21 जानेवारी 2023 सावन संगीत तालीम जातली.

सर्तीचे अर्ज कुडचडेच्या रवींद्र भवनाच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसून पुराय भरिल्ले 13 जानेवारी 2023 सांजेच्या 5.00 वरांमेरेन स्विकारतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/05

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.